# CLASS 3

**MATHEMATICS** **60 QUESTIONS**

**1) दिल्ल्या आंकड्यांक चडट्या क्रमान बरयात. 65,20,47,33,9**
अ) 47,33,65,9,20
ब) 9,20,33,47,65
क) 33,9,20,65,47
ड) 20,65,33,9,47

**2) दिल्ले आंकड्यांक देंवत्या क्रमान बरयात. 12,7,29,43,38**
अ) 12,29,7,38,43
ब) 39,43,7,12,18
क) 43.38,29,12,7
ड) 38,12,43,7,29

**3) व्हडल्या आंकड्याचेर कुरू करात.**
अ) 98
ब) 117
क) 54
ड) 80

**4) 200 परस 750 चड ते अशे दिसतात.**
अ) 950
ब) 850
क) 800
ड) हातूंतलें एकय न्हय

**5) योग्य पर्याय वेंचून काडात.**
अ) 5+3 = 2+2+2
ब) 10 + 5 = 30 – 15
क) 5+5+5+5 = 30 – 20
ड) 20 – 7 = 20 – 5

**6) सकयल दिल्ल्या आंकड्यांतलो खंयचो आंकडो गटांतलो दुसरो व्हडलो आंकडो आसा ?**
**( 595, 600, 795, 825,150 )**
अ) 595
ब) 600
क) 825
ड) 795

**7) सकयल दिल्यात तातूंतले खंयचे 3 मिण्टांचें मुखेलपण करता.**
अ) 60 सेकंद + 60 सेकंद
ब) 60 सेकंद + 60 सेकंद + 60 सेकंद
क) 60 सेकंद + 30 सेकंद
ड) 30 सेकंद + 30 सेकंद

**8) वाक्य बरोबर करपाखातीर प्रश्नचिन्हाची सुवात खंयचो आंकडो घेंवक शकता ? 40 -  ? =  24**

अ) 38

ब) 24

क) 19

ड) 16

**9) सकयल दिल्यात तातूंतलो खंयचो आंकडो 18 परस कमी पूण 16 परस व्हड आसा ?**

अ) 17

ब) 18

क) 19

ड) 21

**10) सकयल दिल्यात तातूंतलो खंयचो आंकडो 122 सारखो आसा ?**

अ) 446 – 240

ब) 295 - 145

क) 347 - 225

ड) 769 - 547

**11) सकयल दिल्ल्या विधानांपैकीं खंयचें विधान बरोबर आसा ?**

अ) 19 उपरांत 18 येतात.

ब) 17 आंकडो हो 16 आनी 18 मदीं येता.

क) 13 हो आंकडो 14 पयलीं येता.

ड) 19 हो आंकडो 20 उपरांत येता.

**12) कितेले खेपे धा म्हणजे 90 ?**

अ) धा नाच

ब) 9 खेपे धा

क) दोन खेपे

ड) चार खेपे धा

**13) अनिलान सांजे 7 वरांचेर गाडी चलोवपाक सुरवात केल्ली. तो आपणाक जाय त्या सुवातीर बरोबर सांजे 8.30 वरांचेर पावलो. ताणेन कितलीं वरां गाडी चलयली.**

अ) 1 वर 30 मिण्टा

ब) 1 वर 20 मिण्टा

क) 2 वरां 20 मिण्टा

ड) 2 वरां 30 मिण्टा

**14) हातूंतले खंयचे 13 खेपो 10 परस उणे आनी 2 एकक अदीक आसात.**

अ) 142

ब) 132

क) 138

ड) 123

**15) एक टांकयेंत 50 लिटर इतलें उदक आसा. जास्मीनान टांकयेच्या नळांतल्यान 25 लिटर उदक काडलें. जाल्यार टांकयेंत कितलें उदक उरतलें ?**

अ) 25 लिटर

ब) 30 लिटर

क) 40 लिटर

ड) 50 लिटर

**16) करणाकडेन कांय चॉकलेटी आसात. ताणेन आपले बायलेक 43 चॉकलेटी दिल्यो आनी ताचेकडेन 28 चॉकलेटी उरल्यो. करणाकडेन कितल्यो चॉकलेटी आशिल्ल्यो ?**

अ) 15

ब) 78

क) 71

ड) 50

**17) 4 शेंकडो 3 दशक आनी 5 एकक + 2 शेंकडो 2 दशक 6 एकक**

अ) 616

ब) 636

क) 661

ड) 669

**18) ल्हान आंकड्याचेर कुरू करात.**

अ) 0

ब) 28

क) 65

ड) 102

**19) दिल्यात त्या आंकड्यामंदीं फावो ती कुरू करात. 79 ------- 97**

अ) >

ब) =

क) +

ड) <

**20) 3 दशक 4 एकक** + 5 दशक 2 एकक = ?

अ) 32

ब) 53

क) 89

ड) 86

**21) फाटल्यान मेजात आनी वजा करात. 19 – 7**

अ) 21

ब) 12

क) 19

ड) 7

**22) एका वर्गांत 20 चले आनी 17 चलयो आसात. सगळे मेळून वर्गांत कितलीं भुरगीं आसात ?**

अ) 39

ब) 36

क) 37

ड) 20

**23) एका झाडार 18 सवणीं बशिल्लीं. 8 उडून गेलीं. जाल्यार झाडाचेर कितलीं सवणीं उरलीं ?**

अ) 10

ब) 8

क) 18

ड) 0

**24) 24 – 12 = ?**

अ) 10

ब) 12

क) 0

ड) 20

**25) 7 X 0 = ?**

अ) 7

ब) 07

क) 0

ड) 70

**26) सकयल दिल्या तातूंतली सगळ्यांत ल्हान चार अंकी संख्या खंयची ?**

अ) 1000

ब) 0001

क) 1001

ड) 1100

**27) 90 दसकांतल्यान 80 दसक वजा करात.**

अ) 980

ब) 100

क) 890

**28) जो नंबर ना तो बरयात. 7500 - ? = 7000**

अ) 7000

ब) 500

क) 7050

**29) 4000 हातूंतल्यान जर 1 काडलो जाल्यार कितले उरतले ?**

अ)3900

ब) 4001

क) 3999

**30) 9990 पयलीं येवपी आंकडो बरयात.**

अ) 9991

ब) 9909

क) 9988

ड) 9989

**31) 3003 चें विस्तारीत वा सुटें रुप बरयात.**

अ) 300 + 30

ब) 3000 + 30

क) 3000 + 3

ड) 300 + 3000

**32) 2548 ह्या आंकड्यांतली 2 आंकड्याची सुवात बरयात.**

अ) 200

ब) 2020

क) 2000

ड) 2002

**33) दोन सप्तकांत वा आठवड्यांत कितले दीस येतात ?**

अ) 7

ब) 365

क) 12

ड) 14

**34) एक पेन्सीलीक 12 रुपया जाल्यार 8 पेन्सीलींचे पैशे कितले जातात ते बरयात.**

अ) 96

ब) 84

क) 32

ड) खंयचेंच न्हय

**35) रामाकडेन 25 परस चड पुस्तकां आसात. सॅमाकडेन रामापरस 5 पुस्तकां चड आसात. जाल्यार सगळीं मेळून कितलीं पुस्तकां जातलं ?**

अ) 20

ब) 29

क) 30

ड) 34

**36) सकयल दिल्यात तातूंतलो 67 ते 76 हांचे मदलो आंकडो खंयचो ?**

अ) 77

ब) 70

क) 60

ड) 66

**37) एकोण अंयशीं अशे बरोंव येतात.**

अ) 7  + 9

ब) 70  +  9

क) 70  +  90

ड) 9  +  70

**38) 5 दसका उपरांत जो आंकडो येता तो असो.**

अ) 16

ब) 49

क) 51

ड) 60

**39) 4 मिटर लांबायेच्या दोरयेचे जर सारखे चार कुडके केले जाल्यार एक कुडको कितल्या लांबायेचो आसतलो ?**

अ) 400 मिमिटर

ब)  500 मि मिटर

क) 40 सेंटी मिटर

ड) 100 सेंटी मिटर

**40) 800 सेंटि मिटरांत कितले मिटर आसतात ?**

अ) 5

ब) 4

क) 8

ड) 0

**41) 240 मिण्टा म्हणजे कितलीं वरां जातात ?**

अ)  4

ब)  60

क) 8

ड) 24

**42) 1000 + 90 + 5 =  1295**

अ) 1000

ब) 2000

क) 200

ड) 95

**43) 5 त्रिकोणांत कितले कोन आसतात ?**

अ) 8

ब) 9

क) 20

ड) 15

**44) पणजे ते पर्वरीमेरेन 6 किलो मिटर इतलें अंतर आसा. जाल्यार तें इतलें ----------------- जाता.**

अ) 6000 मिटर

ब) 600 मिटर

क) 6000 सेंटिमिटर

ड) 9000 मिटर

**45) 45 कार गाडयांची चाकां वा टायर कितले जातात ?**

अ) 180

ब) 280

क) 90

ड) 145

**46) 60 सफरचंद म्हळ्यार एपल एकिकडेन केले आनी तांचे 5 सफरचंदांचे गट केल्यार कितले गट जातले ?**

अ) 6

ब) 12

क) 10

ड) 18

**47) 25 आंकड्यांचो लागींचो दसक कितें ?**

अ) 30

ब) 20

क) 40

ड) 50

**48) 8 दसक वजा 35 भाग**

अ) 5 दसक 4 एकक

ब) 4 दसक 5 एकक

क) 8 दसक 3 एकक

ड) 3 दसक 5 एकक

**49) 8 अशे तयार करूंक जायना.**

अ) 7 + 1

ब) 2 + 4

क) 0 + 8

ड) 2 + 6

**50) 15 X 4 हजार म्हणजे = ---------------**

अ) 60 हजार

ब) 60 शेंकडे

क) 60 दसक

ड) 60 एकक

**51) 340 – 60 =**

अ) 300

ब) 260

क) 280

ड) 290

**52) 2340 सांतल्यान 40 कमी केले जाल्यार ---------------- इतले येतात.**

अ) 2300

ब) 2030

क) 2400

ड) 2340

**53) 10 किलो म्हळ्यारच इतले जातात.**

अ) 500 ग्रॅमांचीं 5 वजनां

ब) 50 ग्रॅमांचीं 20 वजनां

क) 100 ग्रॅमांची 5 वजनां

ड) 500 ग्रॅमांचीं 10

54) शाळेंत 324 चले आनी 298 चलयो आसात. सगळे मेळून शाळेंत कितले विद्यार्थी आसात.

अ) 512

ब) 170

क) 622

ड) 522

**55) आठशे स हे आंकड्यांनी बरयात.**

अ) 509

ब) 806

क) 860

ड) 86

**56) सकयल दिल्ललया खंयच्या आंकड्याचें थळावें मोल 7 आसा ?**

अ) 471

ब) 417

क) 174

ड) 741

**57) 8 + 600 + 60 हांचे हें विस्तारीत रुप आसा.**

अ) 1668

ब)  660

क) 606

ड) 600

**58) एका गावांत 458 दादले आनी 388 बायलां आसात. सगळी मेळून गावांत कितली लोकसंख्या आसा ?**

अ) 840

ब)  848

क) 846

ड) 806

**59) शाळेंत सगळे मेळून 750 विद्यार्थी आसात. तातूंतले 350 चले आनी उरिल्यो सगळ्यो चलयो. जाल्यार शाळेंत चलयो कितल्यो आसात ?**

अ) 400

ब) 600

क) 405

ड) 350

**60) एका कादेनाचो म्हळ्यार नोट बुकाचें मोल 10 रुपया जाल्यार 88 नोट बुकांचें मोल कितलें  ?**

अ) 888

ब)  880

क) 808

ड)  800

**ENVIRONMENTAL SCIENCE (EVS)** **60 QUESTIONS**

**1) झाडां सोडल्यार हेर सगळ्यो सजीव वस्तू एका जाग्यावेल्यान दुसऱ्या जाग्यार ------------- शकतात.**

अ) खांवक

ब) वचूंक

क) न्हिदूंक

ड) भेटूंक

**2) ही वखदी वनस्पत न्हय.**

अ) पुदिना

ब) तुळस

क) लसूण

ड) आंबो

**3) वाली म्हळ्यार ------------- वनस्पती.**

अ) बळीश्ट

ब) जाड

क) कमकुवत

ड) उंच

**4) सवण्याक उडपाक ------------ आसतात.**

अ) पाखां

ब) कल्लां

क) फुप्फुसां

ड) कुबडां

**5) हो प्राणी आमकां लोकर दिता.**

अ) मेंढर

ब) लोकरी

क) बकरो

ड) उंट

**6) रानवटी जनावरां -------------- रावतात.**

अ) कालव्यांत

ब) काचेच्या बॉक्सांत

क) रानांत

ड) शेतांत

**7) कितलींशींच वर्सां जालीं तरीय म्हजी आकृती, आकार आनी वजन एकच उरता. जाल्यार हांव कोण ?**

अ) शिंव

ब) खेळणीं

क) मांजर

ड) झाड

**8) हांव उदकांत आनी जमनीरय रावंक शकता. हांव कोण ?**
अ) बेबो
ब) हत्ती
क) गाय
ड) शींव

**9) आमचें राष्ट्रीय झाड खंयचें ?**
अ) आंबो
ब) पीपळ
क) लिंबवाचें झाड
ड) वड

**10) तापमान मेजपाखातीर वापरिल्ल्या उपकरणांक ------------------- अशें म्हणटात.**
अ) मीटर
ब) थर्मामिटर
क) सेंटिमिटर
ड) मिलिमिटर

**11) खूब व्हड रुखांक ---------------- म्हणटात.**
अ) झाडां
ब) वखदीं झाडां
क) वाली
ड) झोपां

**12) हें शेतांत रावपी जनावर न्हय.**
अ) म्हस
ब) वाग
क) बकरी
ड) कोंबडी

**13) म्हजो आजो बरो ना. हांव ------------- पळोवपाक वता.**
अ) तिकां
ब) ताकां
क) हिकां
ड) हाका

**14) म्हजें पिल खूब सोबीत आसा. ---------------- कोट तपकिरी रंगाचो आसा.**
अ) ताचो
ब) तिचो
क) तांचो
ड) हाचो

**15) हांतूंतलें खंयचें बरोबर आसा तें सांगात.**

अ) ती एक पुस्तक वाचता.

ब) ते एक पुस्तक वाचता.

क) हांव एक पुस्तक वाचप.

ड) हांतूंतलें एकय न्हय.

**16) होच तो शिक्षक जाणेन म्हज्या बापायक ल्हान आसतना ---------------------**

अ) शिकयलां

ब) शिकोवप

क) विचार

ड) शिकयता

**17) छपराच्या --------- हावेन गरूड पळयलो.**

अ) वयर

ब) सकल

क) छपरार

ड) पोंतार

**18) अस्तंतेक सूर्य ---------------**

अ) उदेवप

ब) उदेंता

क) मावळटा

ड) दिसता

**19) म्हजो वाडदीस एप्रील --------------- आसा.**

अ) म्हयनो

ब) म्हयन्यांत

क) म्हयन्यांनी

ड) म्हयन्यार

**20) सकयल दिलां तांतूंतलें खंयचें वनस्पतीचें उत्पादन आसा? पूण आमी तें खावपाक शकनात.**

अ) मोसंबी

ब) रबर

क) कोबू

ड) मिरसांग

**21) वनस्पती आपणांक नाका आशिल्लो ------------------- भायर सोडटा.**

अ) उजवाड

ब) प्राणवाय

क) कार्बन डायऑक्सायड

ड) हातूंतलें खंयचेंच न्हय

**22) सकयल दिल्ल्या खंयच्या प्रकारच्या कपड्यांक सादारणपणान सुकी नितळसाण करपाची गरज आसा ?**

अ) सुती कपडो

ब) रेनकोट

क) सिल्क आनी वुलन

ड) हातूंतलें खंयचेंच न्हय

**23) शीनाची आजी लोकरीच्या सुतापासून स्वेटर तयार करता. हे पद्धतीक कितें म्हणटात.**

अ) विणप

ब) कातप

क) शिंवप

ड) चकतावप

**24) आमी आमचें अन्न ----------- जायना.**

अ) रानपाक

ब) खावपाक

क) चड शिजोवपाक

ड) हातूंतलें खंयचेंच न्हय

**25) बरीं पक्कीं घरां हीं --------------- बांदतात.**

अ) सिमेटाचीं

ब) विटांचीं

क) स्टीलाचीं

ड) मातयेचीं

**26) सकयल दिलां तांतूतलें खंयचें अन्न आमचें शरीर घटमूट करता ?**

अ) मांस

ब) बटाट

क) पिझ्झा

ड) फळां

**27) सकयल दिल्ल्या उतरांतल्यांन सजीव वस्तूंचो आंकडो सोदून काडात. सुणो, गाडी, नुस्तें, कार, झाडां, खिडकी, पेन, गाय.**

अ) 4

ब) 2

क) 3

ड) 5

**28) वाळवंटांत सहजतायेन खंयची वनस्पती मेळटा ?**

अ) लिंबू

ब) आंबो

क) नवलकांडे

ड) पेर

**29) येरादारी म्हळ्यार ट्राफीक लायटीचो खंयचो रंग तुमकां रस्तो हुंपपाक दिता ?**

अ) तांबडो

ब) पांचवो

क) हळदुवो

ड) केसरी

**30) फळां आनी भाजयो -------------------------------**

अ) आमकां दुयेंत पडपाक मजत करतात.

ब) दुयेंसा पासून रक्षण करतात.

क) आमची वाड जावपाक मजत करीनात.

ड) हो आमचो पुराय आहार.

**31) रोहन आपल्या खिंडकेंतल्यान चंद्राकडेन पळयता. मळबांत तो बरो चकचकता. चंद्राचेर चकचकपी उजवाड खंयच्यान येता ?**

अ) चंद्राक सुर्याकडल्यान उजवाड मेळटा.

ब) चंद्राक उपग्रहांतल्यान उजवाड मेळटा.

क) चंद्राक आपलो स्वताचो उजवाड आसता.

ड) चंद्राक धर्तरेवेल्यान उजवाड मेळटा.

**32) आमी आमचे पैशे खंय सुरक्षीत दवरतात ?**

अ) हॉस्पीटलांत

ब) शाळेंत

क) बँकेंत

ड) बागेंत

**33) वाळवंटांत प्रवास करपाक खंयच्या प्राण्याचो उपेग जाता ?**

अ) उंट

ब) गाय

क) सुणो

ड) लोकरी

**34) सकयल दिल्ल्या खंयच्या फळांत फकत एकच बी आसता ?**

अ) एपल

ब) आंबो

क) पोपाय

ड) वांयगें

**35) दिसांतल्यान आमी ------------- फावट दांत घासपाक जाय.**

अ) एकदा

ब) दोनदा

क) पांच खेपो

ड) हांतूंतलें एकय न्हय

**36) हांव वखदां विखतां. हांव कोण ?**

अ) दोतोर

ब) रसायन शास्त्रज्ञ

क) मेस्त

ड) प्लंबर

**37) येरादारी करपी खंयच्या साधनांतल्यान धुंवर तयार जायना ?**

अ) बस वा गाडी

ब) सायकल

क) कार

ड) ट्रक

**38) शाळेंत वतना तुमी कितें घालतात ?**

अ) रेनकोट

ब) गिमांतले कपडे

क) युनिफॉर्म

ड) थंडीचे कपडे

**39) सकयल दिल्ल्या खंयच्या प्राण्यांक पांय नात ?**

अ) फुलपाखो

ब) सोरोप

क) हुंदीर

ड) कोळी

**40) आमच्या भोंवतणचो वाठार ताजो, नितळ आनी शांत दवरपाखातीर आमी कितें करचें न्हय ?**

अ) झाडां लायात.

ब) फुलझाडां लायात

क) कोयराचीं आयदना सारखीं जाग्यार दवरात.

ड) व्हडल्या आवाजांत संगीत लायात.

**41) जर केशरी रंग 1 च्या जाग्यार आसा, पांचवो रंग दोनाच्या जाग्यार आसा आनी धवो रंग तीनाच्या जाग्यार आसा जाल्यार, आमच्या राष्ट्र्ध्वजांतल्या रंगांचो योग्य क्रम सांगात.**

अ) 1, 2 आनी 3

ब) 1, 3 आनी 2

क) 3, 2 आनी 1

ड) 3, 1 आनी 2

**42) सकयल दिल्यात तांतूंतलें कोण उदकांतल्यान वचना ?**

अ) नौका

ब) रिक्षा

क) पाणबुडो

ड) बोट

**43) आमकां पत्रां दिता तो.**
अ) पोस्टमन
ब)  पोलीस
क) वॉचमन
ड) हातूंतलें खंयचेंच न्हय.

**44) जो न्यायालयांत काम करता तो.**
अ)  आद्वोगाद
ब)  दोतोर
क) नर्स
ड) दुकानदार

**45) आंधळ्याक सगळ्यांत चड मजत करपी.**
अ) स्पर्श आनी जाणवप
ब)  वास
क) दोनूय अ आनी ब
ड) एकूय न्ही.

**46) ही वखदी वनस्पती**
अ)  लिंबू
ब)  पुदिना
क) तुळस
ड) हातूंतलीं सगळीं

**47) आमी हीं फुलां खातात.**
अ)  केळफूल
ब)  कांचनफूल
क) मस्काफूल
ड) हीं सगळींच

**48) आमी हीं पाना खातात.**
अ) करवील
ब)  पुदिना
क) कोथंबीर
ड) हीं सगळींच

**49) जो मातयेचीं आयदना तयार करता तो.**
अ) कुंभार
ब) मेस्त
क) गवंडी
ड) हे सगळेच

**50) आमकां जोकर -------------------- दिश्टी पडटात.**

अ)  घरांत

ब) सर्कशींत

क) अभयारण्यांत

ड) शाळेंत

**51) आमी ------------- उदक नितळ करूंक शकतात.**

अ)  गरम करून

ब)  गाळून

क) दोनूय पद्धतीन अ आनी ब

ड) हातूंतलें एकय न्हय

**52) दनपरां आमी जेवतात ताका ----------------------- म्हणटात.**

अ) दनपारचें जेवण

ब)  रातचें जेवण

क) नाश्तो

ड) हातूंतलें एकय न्ही

**53) घरांतली सगळ्यांत व्हडली व्यक्ती म्हळ्यार ----------------------**

अ) भुरगो

ब) आजो

क) बापूय

ड) आवय

54) आमकां ----------- इंद्रियां आसात.

अ) 3

ब)  5

क) 4

ड) 6

**55) आमकां आमचे ---------------------- जाणवता.**

अ) कातीक लागून

ब)  जीबलेक लागून

क) नाकाक लागून

ड) डोळ्यांक लागून

**56) आमकां दूद हाडटा तो ---------------------**

अ)  म्हालो

ब) दुदकार

क) टेलर

ड) ड्रायव्हर

**57) ------------------- झाड घट्ट जमनीर उरपाखातीर मजत करतात.**

अ) मुळां

ब)  पानां

क) फुलां

ड) फळां

**58)  ट्राफीकाची तांबडी लायट आमकां ------------- म्हण्टा.**

अ)  सवकास

ब)  राव

क) चल

ड) धांव

**59) अशी एक सुवात ज्या सुवातींत आमकां भरपूर जनावरां पळोंवक मेळटात.**

अ) अभयारण्य

ब) बाग

क) खेळामैदान

ड) पार्क

**60) सकयल दिल्लो खंयचो राष्ट्रीय उत्सव आसा ?**

अ) होळी

ब) दिवाळी

क) स्वातंत्र्यदीस

ड) चवथ

---